कॅन्सराआडच्या वखदां खातीर वेपार फायदो सुसूत्रीकरण पद्दतीची अंमलबजावणी

ता. 27 ऑक्टोबर 2026

गोंय राज्य किंमत देखरेख आनी संसाधन विभागान निवडक 137 बिन-अनुसूचित कॅन्सरविरोधी वखदां खातीर वेपार फायदो (Margin) सुसूत्रीकरण (TMR) पद्दत लागू केल्या, जी राज्यात परवडपी कॅन्सर उपचारांच्या दिकेन एक म्हत्वाचे पावल आसा.

सुदारीत किंमत 9 नोव्हेंबर 2026 सावन लागू जातली आना फुडलो आदेश ये मेरेन लागू उरतलो. कॅन्सर दुयेंसाआडची आवश्यक वखदां दुयेंतींक परवडपी दरांत मेळची म्हूण रसायनां आनी सारीं मंत्रालयाच्या फार्मास्युटिकल विभागाखाला आशिल्ल्या राष्ट्रीय वखदां किंमत प्राधिकरणान (NPPA) वखदां दराखातीर 137 बिन-अनुसूचित कॅन्सरविरोधी वखदांची शिफारस केल्या. ली आहे. कॅन्सराआडच्या वखदांचे उत्पादन करपी उत्पादकांक कळोवपात येता की, तांणी अधिकृत राजपत्रात आदेश प्रसिद्ध जायत सावन सात दिसां भितर सुदारीत कमाल किरकोळ किंमतीची (MRP) म्हायती NPPA आनी संबंदीत राज्य वखदां नियंत्रकाक सादर करची. अशी म्हायती सादर करूक ना जाल्यार कमाल किरकोळ किंमतीत (MRP) कपात जावक ना अशें मानतले आनी कायद्येशीर कारवाय जातली.

वखदां किंमत नियंत्रण आदेश (डीपीसीओ), 2013 चे कलम 25(3) प्रमाण प्रत्येक किरकोळ विक्रेतो, वितरक, हॉस्पिटल आनी संस्थेन उत्पादकान दिल्ली किंमत सूची आनी पुरवणी किंमत सूची, ते वेवसाय करपी सुवातेर लावपाक जाय, जेणे करून ती सूची पळोवपाक सोदपी खंयच्याय व्यक्तीक सहज उपलब्ध जातली. अदीक म्हायती खातीर www.nppa.gov.in आनी www.dfda.goa.gov.in ह्या संकेतस्थळांक भेट दिवची.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/664

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.